आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 23/08/2025 6.30 PM

भारत सेमी-क्रायोजेनिक इंजिन आनी इलेक्ट्रीक प्रोपल्शन अशा आर्विल्या तंत्रगिन्यानांत नेटान प्रगती करता आनी बेगीनूच गगनयान मोहीम चालिक लायतलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. फुडल्या दिसांनी भारत आपलें स्वताचें अंतरिक्ष केंद्र उबारतलों अशें ताणीस्पश्ट केलें. राष्ट्रीय अंतरिक्ष दिसा निमतान शास्त्रज्ञां सयत सगल्या तरणाट्यांक ताणी परबीं दिल्यात. राश्ट्रीय अंतरिक्ष दीस तरणाट्यां मदीं उमेदीचो आनी आकर्शणाचो विशय जाला राश्ट्रीय अशें ताणी सांगले

फाटल्या 11 वर्सांत अंतरिक्ष मळार सरकारान जायत्यो सुदारणा केल्यात आनी ह्या मळार देशाचे उदर्गातीन सामान्य नागरिकांच्या जिवितांत जायते बदल घडोवन हाडल्यात. शेती, नुस्तेमारी, आपत्ती वेवस्थापन, जोडणी आदी क्षेत्रांनी ह्या क्षेत्राचे व्हड योगदान आसा अशें ताणी मुखार सांगलें. तशेच सध्या 350 स्टार्टअप ह्या मळार वावूरतात आनी फुडल्या 5 वर्सांत अंतरिक्ष क्षेत्रांत 5 युनिकॉर्न तयार करपाचे आनी दर वर्सा 50 रॉकेटचे प्रक्षेपण कारपाची मोख दवरपाची सुचोवणी तांणी केली.

मजगती चंद्रयान-3 मोहिमेन देशांतल्या तरणाट्यां मदीं नवनिर्माण आनी उद्देशाची नवी भावना निर्माण जाल्या अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी म्हला

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेचे अध्यक्ष डॉ. व्ही.. नारायणन हाणी भारताच्या अंतराळमळावेल्या उदारगतीची तोखणाय केल्या. भारतान 9 अंतरिक्ष मोहीमानांनी फुडारपण केला अशे आकाशवाणीच्या खबरा विभागाग दिल्ले खाशेले मुलाखतींत तांणी सांगले.

इसरोन दुकळ, पावस आनी हवामान हांचे विशीं अचूक म्हायती दिवपी जिओ पोर्टल तयार केलां अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज सांगलें. बयतेस

भारत-अमेरिका वेपारी उलोवणी अजूनय चालू आसा आनी भारत आपल्या राश्ट्रीय हिताचे नदरेन निर्णय घेतलो अशें विदेश मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी सांगलें. ते आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या द इकोनॉमिक टाइम्स वर्ल्ड लीडर्स फोरमात उलयताले. देशांतल्या शेतकार आनी ल्हान उत्पादकांचे हिताखातीर सरकार बांदील आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.

फाटल्या 11 वर्सांत अंतरिक्ष क्षेत्र खाजगी क्षेत्रा खातीर उक्तें करप ही सगळ्यांत व्हडली सुदारणा अशें अंतरिक्ष राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या दुसऱ्या राष्ट्रीय अंतरिक्ष दीसाचे कार्यावळींत ते उलयतांले . सुदारणा कामगिरी आनी परिवर्तन ह्या मंत्रान अंतरिक्ष क्षेत्र मुखार वता अशे ताणी मुखार सांगले .

अंतरिक्षयात्री ग्रुप कॅप्टन सुभांशु शुक्ल हांणी नवी दिल्लीच्या नेहरू प्लॅनेटॅरियमांत आर्यभट्ट गॅलरीचे उक्तावण केली. हेवीशी अभिमान उक्तायतना ताणी म्हणलें की हो देशा खातीर भांगराळ काळ आसा.

टपाल खात्यान 25 ऑगस्टा सावन अमेरिकेंत धाडपा आशिल्या सगळीं टपाल वस्तू तात्पुरतीं स्थगीत करपाचो निर्णय घेतला. अमेररका सरकारान जारी केल्ल्या आदेशा प्रमाण हो निर्णय घेतला. टपाल खातें सगळया भागधारकां वांगडा समन्वयान विकसीत जावपी परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरता आनी सेवा बेगीन सामान्य करपाखातीर सगळे यत्न करता. हे परिस्थितीक लागून अमेरिकेंत धाडूंक मेळनात अशीं पयलींच बुक केल्या गिरायकांक टपाल खर्च परत मेळपाचो दावो करूं येता. गिरायकांक जाल्ल्या असुविधाये खातीर टपाल खातें माफी मागता.

बनारस इंजिन वर्क्स (बीएलडब्ल्यू) कंपनीन वाराणसींतल्या आपल्या पायलट प्रकल्पांत भारतांतले पयले काडपा येवपी सौर पॅनल बाजारांत हाडल्यात. भारतीय रेल्वेच्या टिकावू आनी पाचवी येरादारी वेवस्थे कडेन वचपा एक पावल आसा

माल आनी सेवा कर- जीएसटी परिषदेची ५६ वी बसका फुडल्या म्हयन्याच्या ३ आनी ४ तारखेक नवी दिल्लीत जातली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या येजमानकेखाला ही बसका जातली. जीएसटींतलो 12 आनी 28 टक्के थर काडून उडोवपाचो निर्णय हे बसकेंत घेवपाची शक्यताय आसा.

उत्तराखंडांतल्या चमोली जिल्ह्यांत पडील्ल्या उटागराच्या पावसाकरणान थराली तहसीलांत व्हड प्रमाणांत लुकसाण जालें.  जिल्लो प्रशासन, राज्य आपत्ती प्रतिसाद दळ आनी पुलीस झुजा पाव्न्द्यार मजत आनी बचाव कार्याखातीर वावरतात. मजगती मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक थारलींत आदार आनी बचाव कार्य चड खर करपाचे निर्देश दिल्यात.

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या 2-3 दिसांत दिल्ली बिहार, झारखंड, छत्तीसगड, पंजाब, उत्तराखंड,  गुजरात आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी चड पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला

कझाकस्तानांतल्या शिमकेंटांत जाल्ल्या सोळाव्या आशियाई नेमबाजी  सर्तींत भारताचे अर्जुन बाबूता आनी एलावेनिल वलारिवन हांणी 10 मीटर एअर रायफल मिक्स सर्तींत भांगरा पदक जिखलें.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.